# <u>अटल ग्राम विकास  येवजणेखाला नेतुर्ली गांवाची उदरगत</u>

ता. 9  जुलय 2020

-

गोंय राज्याच्या  ग्रामीण वाठारांतल्या गांवांची उदरगत करून त्या गांवांतल्या गरीब लोकांची आर्थिक परिस्थिती सुदारपाच्या उद्देशान 2016 वर्सा अटल ग्राम विकास एजन्सी-गोवाची स्थापणूक जाली. यंत्रणेन आपले पयले उद्दीश्ट म्हुण राज्याच्या खाशीकोनशानी वसलेल्या गांवांची निवड करून त्या गांवांचो आदर्श ग्राम विकास संकल्पनेतल्यान उदरगत करपा खातीर सर्वसमावेशक कार्यक्रमाची आखणी केली.

अटल ग्राम विकास यंत्रणेन ह्या येवजणेखाला सगळ्यांत पयली सांगे तालुक्यातल्या नेतुर्ली  ह्या गांवाची निवड केली. नेतुर्ली गांवाची निवड करतना यंत्रणेन गांवांतल्या आदिवासी समाजाची 65 टक्क्यापरस चड आशिल्ली लोकसंख्या, भुगोलीक क्षेत्र, शेती लागवडीक पोषक हवामान,गांवपण आनी शेती वेवसायाचो विचार केलो.

नेतुर्ले गांवच्या विकासाखातीर यंत्रणेन 2019 मेरेनच्या अल्प काळांत अनेक म्हत्वकांक्षी उपक्रमांची अंमलबजावणी करून थळाव्या शेतकारांक फायदो करून दिलो. मुखेलपणान शेती आनी शेती संबंदीत हेर उपक्रमांचेर भर दिलो. अशा उपक्रमांतल्यान शेतकारांक बरो मोबदलो मेळपाक लागलो. शेतकारांक हरवो चारो लागवडीक प्रोत्साहन दिले. ह्या उपक्रमातल्यान 81207 चौ. मी. जमीन हरवो चारो लागवडीखाला येवपा वांगडाच गांवच्या दुदकार शेतकारांक बरो फायदो जावन दुद उत्पादन वाडपाक मदत जाली.

यंत्रणेन 195 शेतकारांखातीर प्रशिक्षण कार्यक्रम आयोजीत केलें. शेतकारांक राज्यांतल्या विंगड विंगड प्रगतीशील दुद शेतकारांच्या डेअरी फार्मांनी व्हरून डेअरी वेवसायातल्या नवीन तंत्रज्ञान आनी पद्दतीची म्हायती दिली. अनेक शिबीरां आयोजीत करून गायों/म्हशीं गाभण वचपाच्या प्रक्रियेची म्हायती दिली.

गांवातल्या काजू उत्पादनाचो दर्जो आनी प्रमाण वाडोवपा खातीर शेतकारांखातीर भारतीय कृषी संशोधन मंडळाच्या सहकार्यान दिशानिदेशन कार्यक्रम आयोजीत केलो. शेतकारांक काजू लागवडीच्या नवीन पद्दतीची म्हायती करून दिली. गांवातले काजू उत्पादन वाडोवपाच्या उद्देशान यंत्रणेन 197 काजू लागवड कुटुंबांक 150 टन नीम केक आनी 30 टन रॉक फॉस्फेट वितरीत केले.

आदिवासी समाजातल्या खास करून बायलांमदी वेवसाय कुशळताय वाडोवपाखातीर गांवातल्या 58 कुटुंबांक वनराज जातीच्या 580 कोंबडी पिलांचे वाटप केले. बायलांच्या सशक्तीकरणा खातीर सतत सात वर्सां नेत्रावळी माटोळी बाजाराचे आयोजन करपात येता. अशा माटोळी बाजारांनी 30 आप मजत पंगडांच्यो 150 महिला वाटो घेतात आनी सुमार धा हजारांमेरेन येणावळ जोडटात.

पारंपारिक कुळागारांनी नगदी पिकां घेवपाक शेतकारांक प्रोत्साहन दिवपात येता. यंत्रणेन थळाव्या शेतकारांक 994 जायफळाचे रोपे वितरीत केले.

गांवगिऱ्या पर्यटनाक प्रोत्साहन दिवपा खातीर नेत्रावळी गांवातल्या पर्यटन स्थळांकडेन वचपाक मार्गदर्शन करपी बोर्ड लावप, पर्यटन स्थळांची म्हायती दिवपी नकाशे लावप, पर्यटन

स्थळांर बसपाक बाक घालपा वांगडाच यंत्रणेन गांवगिऱ्या पर्यटनाक प्रोत्साहन दिवप आनी ग्रामीण शेतकारांची अर्थिक परिस्थिती सुदारपाच्या उद्देशान नेतुर्ले ग्रामपंचायत वाठारांतल्या वेर्ले आनी तुडव गांवांत स्ट्रॉबेरीच्या लागवडीक प्रोत्साहन दिले. गांवात अपेक्षे परस चड पर्यटनात वाड जाली आनी ग्रामीण लोकांची अर्थिक वाडय जाली. फाटल्या दोन वर्सांच्या काळात 64 शेतकारांनी स्ट्रॉबेरीचे उत्पादन घेवन 11 लाखा वयर येणावळ मेळयली.

अटल ग्राम विकास यंत्रणेन स्वच्छ भारत- नितळ गोंय मोहिमेखाला समाजीक शौचालयासयत दोन दुकानां आशिल्लो प्रकल्प उबारलो. थळाव्या पंचायतीक भाड्याच्या रूपान येणावळ मेळची आनी शौचालयाची देखभाल जावची हो ह्या प्रकल्पाचो उद्देश आसा. ई-बुक, टीव्ही, डीव्हीडी, साऊंड सिस्टम अशा आधुनिक शिकवणी सुविधांसयत आदर्श अंगणवाडीचे बांदकाम केले. तशेंच नेतुर्ली पंचायत वाठारांतल्या सगळ्यां अंगणवाडीकय ई-बुक, टीव्ही, डीव्हीडी, साऊंड सिस्टम अशो आधुनिक शिकवणी सुविधां उपलब्ध केल्यो.

यंत्रणेन वेर्ले गांवात एक किलोमिटरची पायपलायन घालून न्हंयचे उदक वेर्ले आनी तुडव गांवच्या शेतकारांक उपलब्ध करून दिले. पाच हजार चौ. मी. क्षेत्रफळात ड्रिप इरिगेशन शिंपणावळ सुविधा पावयली. गांवातल्या 88 शेतकारांक मिरची आनी भेंडीची मेळून 11,500 रोपां वाटली आनी 11,600 चौ. मी. क्षेत्रफळ बागायत लागवडीखाला हाडले. तशेंच यंत्रणेन हालीच 68 शेतकारांक एक टन भात बियाणाचे वाटप करून सुमार 10 हॅक्टर जमीन भात लागवडीखाला हाडली.

म्हा /सप/ ऑपे/ विगां/ 2020/371

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA